**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची परबीं**

ता. 18 डिसेंबर 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा,गोंय मुक्ती दिसाच्या ह्या इतिहासीक प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयता.

1961 वर्सा ह्या कीर्तवंत दिसा निमाणें पोर्तुगीज गवर्नर जनरलान विजयी भारतीय लश्कर दळांमुखार शरणागती पत्करली आनी पोर्तुगीज सत्तेच्या बंधनातल्यान गोंयच्या स्वतंत्रताये खातीर मार्ग मोकळो जालो. ह्या वर्सा गोंय मुक्तीची 60 वर्सां पुराय जातात, त्या खातीर आयचो हो दीस संस्मरणीय आसा. गोंय मुक्तीचे हीरक महोत्सवी वर्स मनोवपाच्या ह्या इतिहासीक सुवाळ्याक वाटेकार जावपाक म्हाका अभिमान जाता. ह्या म्हत्वाच्या दिसा हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयता.

स्वतंत्रतायेचो प्रवास दीर्ग आनी कठीण आशिल्लो. मुक्ती चळवळीत गोंयांतल्या आनी भारताच्या हेर वांठारांतल्या स्वातंत्र्य सैनिकांक अनेक कश्ट भोगचे पडले आनी त्याग करचो पडलो. ह्या इतिहासीक प्रसंगार धाडसी आनी पराक्रमी सैनिकांक तशेंच धीट आनी निसुवार्थ स्वातंत्र्य सैनिकांक आमी नमन करप योग्य आसा. तशेंच गोंय मुक्ती खातीर आपल्या मोलादीक जीणेचो त्याग केल्ल्या त्या म्हान आत्म्यांक आमी आर्गां ओपूया. कवी बाकिबाब बोरकरान म्हणला, "तेथे कर माझे जुळती" म्हळ्यार आपल्या मायभुंयेखातीर त्याग केल्ल्याक हांव हात जोडून नमन करता.

गोंयांक एक खाशेली वळख आसा जी गोंयच्या लोकांनी मुक्ती उपरांच्या काळांत अनेक आव्हांनांक तोंड दिवन सांबाळून दवरिल्ली आसा. 1967 च्या जनमत कौलातल्यान गोंयची ही खास वळख सिध्द जाल्या. 1987 वर्सा मेळिल्लो घटकराज्याचो दर्जो गोंयचो खाशेलो वारसो सांबाळून दवरपाच्या प्रवासातली म्हत्वाची घडणूक जावन आसा. कोंकणीचो भारतीय घटनेच्या 8 व्या परिशिश्टांत जाल्ल्या आस्पावान राज्याची अस्मिताय आनीक घटमूट जाली. ही खाशेली वळख सांबाळून दवरपा खातीर कठीण संघर्श केल्ल्या गोंयचे सगळें फुडारी आनी लोकांचे हांव अभिनंदन करता.

गोंयांन साबार मळार तोखणायेची प्रगती केल्ली आसा, जशें अदीक दरडोई येणावळ, मानवी विकासाच्या बाबतीत देशांत तीसऱ्या नंबराचे राज्य, अन्न सुरक्षेच्या बाबतीत उत्कृश्ट काम करपी राज्य, वित्त आयोगावतीन साधनसुविधा बाबतीत उत्कृश्ट राज्य म्हूण निवड. शाश्वत विकासाच्या उद्दीश्टां बाबतीत 75 ले 72 गुण मेळोवन गोंय देशांत 4 थ्या स्थानार आसा. गोंय हे उदका पुरवण , नितळसाण, ऊर्जा अशां मळार उत्कृश्ट प्रगती करपी राज्य आसा. म्हत्वाचें म्हळ्यार कोवीडा आड लडपा खातीर गोंयांतल्या सगळया पात्र नागरिकांक वासिनाचो पयलो

डोस दिवपाचे 100 टक्के काम पुर्ण जाला. तशेंच 91 टक्के पात्र नागरिकांक दुसरो डोस दिवपाचेय काम पुर्ण जाला आनी ह्या म्हयन्यात खास वासिनिकरण शिबीरां आयोजीत करून 100 टक्के उद्दीश्ट पुर्ण करपाची येवजण आसा.

पर्यटन हे गोंयच्या अर्थ वेवस्थेत भर घावपी एक म्हत्वाचे क्षेत्र. गोंय हे एक बरे पर्यटन स्थळ म्हूण संवसारभर फामाद आसा. गोंय हे सैमान भरिल्ले राज्य आसा. तशेंच गोंय राज्यांत समृध्द संस्कृती आनी वारसो आसा. त्याच बरोबर गोंयचे लोक इश्टागत आनी शांतीकायेन रावपी. गोंयांत विंगड विंगड समाजातले लोक सलोख्यान रावतात. आनी अलोकीक सोबितकायेन गोंयांक संवसारातले फामाद पर्यटन स्थळ केला. देशांत सगळे कडेन कोवीडाची परिस्थिती सुदारत आसून कोवीड वासिनाचे दोनीय डोस घेतिल्ल्या सगळया पर्यटकांखातीर गोंयांन आपली दारां उकती केल्ली आसा. त्या खातीर पर्यटन मळार परजळीत फुडार आसा आनी येणाऱ्या कांय म्हयन्यांत गोंयांत कोवीडा पयली भशेंन पर्यटन मळार वाड अपेक्षीत आसा. त्याच वांगडा सरकार भलायकी शिश्टाचारांची कडक अंमलबजावणी करता.

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 च्या अंमलबजावणी बाबतीत राज्य सरकारान ह्या धोरणाची अंमलबजावणी करपा खातीर प्रामाणिक पावलां उबारिल्ली आसात. शालेय शिक्षण आनी उच्च शिक्षणाखातीर दोन कृती दळां स्थापन केल्ली आसा आनी तांच्या अहवालाचेर निमाणो निर्णय घेवपाचो आसा. पुर्व- प्राथमिक शिक्षणात प्रवेशा खातीरच्या पिरायेची अंमलबजावणी ह्या शालेय वर्सा सावन केल्ली आसा.

मानादीक प्रधानमंत्र्यानी आत्मनिर्भर भारता खातीर मारिल्ल्या उल्याक अनुसरून राज्य सरकारान गोंयांत आत्मनिर्भरतेखातीर स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमं सुरू केला. उपलब्ध थळाव्या साधनांचो उपेग करून गोंयांतले सगळें गांव/शारां आत्मनिर्भर करपाचे उद्दीश्ट आसा. लोकांकडल्यान मेळपी भरपूर प्रतिसाद पळोवन सरकारान "सरकार तुमच्या दारी" कार्यक्रम सुरू केला. फाटल्या एका वर्साच्या काळांत 1800 परस चड कार्यक्रम आयोजीत केले, जांचो 40,000 परस चड लोकांक फायदो जालां. स्वयंपुर्ण पर्यवेक्षक, नोडल ऑफिसर, लिंक ऑफिसर, नगरसेवक, लावधारक, आप मजत गटांनी आपली उमेद दाखयल्या आनी राज्याच्या विकासात योगदान दितात. "सब का साथ, सब का विकास और सब का विश्वास " हो उपक्रमाचो उद्देश आसा. गोंयच्या विकासाखातीर सरकाराचो हो नवो मॉडेल आसा.

रस्ते, रेल्वे, विमानतळ आनी पूलांच्या रूपान साधनसुविधा उपलब्ध करून सरकारान राज्याच्या विकासाखातीर नेटान काम केला. 2500 कोटी रूपयां खर्च करून 8 पदरी जुवारी पूलाचे काम चालू आसा आनी ते पूर्ण जावपाच्या मार्गार आसा. मोपा हांगा 2600 कोटी रूपयां खर्च करून आंतरराष्ट्रीय विमानतळ बांदपाचे काम नेटान चालू आसा आनी ते डिसेंबर 2022 मेरेन पूर्ण जावपाची अपेक्षा आसा. 40 कोटी रूपयां खर्च करून इतिहासीक आग्वाद बंदखणीचे रूपांतर

वारसो स्थळांत केला आनी ताचें उक्तावण आयज जावपाचे आसा. हांलीच नॅशनल फॉरेन्सिक सायन्स विद्यापिठाच्या गोंय कॅम्पसाची बुन्याद घातल्या.

16 सप्टेंबराक मानादीक प्रधानमंत्र्यांच्या 71 व्या वाडदिसाच्या आदल्या दिसा हांवे राज्यपाल निधीतल्यान 71 समाज सेवा संस्थांक ( वृध्दाश्रमां/बालघरां/आसरो घरां/अनाथाश्रमां ) आन्नी डायलिसीस उपचार घेवपी 71 दुयेंतींक अर्थीक मदत दिवपाच्या येवजणेची  घोशणा केल्या. मदतीची गरज आशिल्ल्या लोकांच्या सेवेखातीर राजभवनान सुरू केल्लो हो नवो उपक्रम आसा. ह्या येवजणेक समाजातल्या सगळयां घटकांकडल्यान बरो येवकार मेळ्ळा. राज्याच्या दोनीय जिल्ह्यांनी हांवे भोंवडी केल्या. हांवे अनाथालयां, वृध्दाश्रमां, आसरो घरांतल्या जाण्टे, युवा आनी विशेशांगी व्यक्तिंची भेट घेवन संवाद साधला आनी अशां संस्थांक अर्थीक मदत दिल्या, तशेंच अनेक डायलिसीस दुयेंतींकय अर्थीक मदत दिल्या. हांवे 10 समाज सेवा संस्थांतल्या भुरग्यांक आनी जाण्ट्यांक निमंत्रीत करून तांच्या वांगडा वेळ घालयला. हांवे तांच्या मुखामळार हांसो पळयला. राजभवन दर्शन तांचे खातीर उमेदीचो प्रसंग आशिल्लो.

ह्या उमेदीच्या दिसा, जांणी आमकां स्वातंत्र्य दिले, त्या सगळयां म्हान लोकांचो उगडास करून हांव गोंयच्या लोकांक आमच्या देशाचो आनी राज्याचो उज्वल आनी परजळीत फुडार घडोवपा खातीर स्वता पुर्नसमर्पित जावपाचो उलो मारता, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1058

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji